Panaji National 25th November 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज अयोध्यात श्री राम जन्मभूमि मंदिराक भेट दितले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सांजवेळार कुरुक्षेत्राक भेट दितले.

छत्तीसगडांत बंदी घाल्ल्या भारतीय कम्युनिस्ट पार्टी (माओवादी)च्या 15 वांगड्यांनी काल आत्मसमर्पण केले.

भारत आणि अफगाणिस्तानच्या उंचेल्या पावडया वेल्या शिष्टमंडळांनी वस्त्रोद्योग क्षेत्रात सहकार्य सखोल करपा खातीर चर्चा केली.

भारतान सेगीत दुसरे खेपे महिला कबड्डी विश्वचषक जिखले.

PM Ayodhya –100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज उत्तर प्रदेशांतल्या अयोध्यात श्री राम जन्मभूमि मंदिराक भेट दितले. श्री राम जन्मभूमि देवळांत जावपी ध्वजारोहण सुवाळ्यांतय ते वांटो घेतले. हो सुवाळो देवळाचे निर्माण पुराय जाल्ल्याचे प्रतीक आसा. प्रधानमंत्री महर्षि वशिष्ठ, महर्षि विश्वामित्र, महर्षि अगस्त्य, वाल्मीकी, आनी देवी आहिल्या, निषादराज गुहा, आनी माता शबरी संबंधित सप्तमंदिराक भेट दितले अशे आकाशवाणीच्या प्रतिनिधींन कळीत केला. उपरांत ते शेषावतार मंदिराक भेट दितले. उपरांत प्रधानमंत्री माता अन्नपूर्णा देवळाक भेट दितले आनी राम दरबार गर्भगृहत पूजा करतले.

दनपारां 12 वरांचे सुमाराक प्रधानमंत्री अयोध्याच्या श्री राम जन्मभूमि देवळाच्या शिखराचेर भगवो ध्वज उबारतले, जें देवूळ बांदपाचें काम पुराय जाल्ल्याचे आनी सांस्कृतीक उत्सव आनी राश्ट्रीय एकचाराच्या नव्या अध्यायाची सुरवात जाल्ल्याचे प्रतीक आसा.

PM Kurushetra – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सांजवेळार कुरुक्षेत्राक भेट दितले आनी गुरू तेगबहादुर जी हांच्या 350व्या शहीदी दिसा निमतान घडोवन हाडिल्ल्या कार्यावळींत वाटो घेतले. ह्या वेळार प्रधानमंत्री मोदी एक खाशेलें नाणे आणि स्मृतिचिन्ह तिकीट जारी करतले.
तशेंच प्रधानमंत्री आपल्या भेटी वेळार भगवान श्रीकृष्णाच्या पवित्र शंखाच्या शंखाच्या सन्मानार्थ डिझाइन केलल्या पंचजन्य या नव्या इमारतीचे उक्तावण करतले. उपरांत सांजवेळार प्रधानमंत्री मोदी श्रीमद्भागवत गीतेच्या दिव्य प्रकटीकरणा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या देशांतले पवित्र तीर्थक्षेत्रां पैकी एक आशिल्ल्या ब्रह्म सरोवरांत दर्शन आनी पूजा करतले

Railway – 90

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल उत्तर प्रदेशांतल्या बरौत, बागपाट हांगाच्यान दिल्ली आनी शामली हांचे मदीं दोन मेमु रेल्वे सेवाक पांचवो बावटो दाखयलो. ह्या MEMU गाडयांक लागून विद्यार्थ्यांक आनी वेवसायिकांक बरे प्रवास पर्याय मेळटले, जोडणी सुदारतली आनी प्रदेशाची अर्थवेवस्था वाडटली. ह्या वेळार उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, ह्यो सेवा सुरू केल्ल्यान ह्या वाठारांतल्या दिसपट्ट्या प्रवासी, विद्यार्थी, शेतकार, आनी वेवसायिकांक सुदारीत गतिशीलतेचो फायदो जातलो.अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला 25 कोटी रुपया खर्च करून शामली स्टेशन आधुनीक आनी संवसारीक पांवड्यावेले करपाचे काम सुरू आसा अशीय म्हायती वैष्णव हांणी दिली. रेल्वे मंत्र्यान दिल्ली-शामली रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरण करपाचीय घोशणा केली.

Chattisgarh – 40

छत्तीसगडांत बंदी घाल्ल्या भारतीय कम्युनिस्ट पार्टी (माओवादी)च्या 15 वांगड्यांनी काल आत्मसमर्पण केले. तांचेर सुमार पन्नास लाख रुपया इनाम आशिल्लें. तातूंत धा दादले आनी पांच बायलांचो आस्पाव आसा. ह्या पंगडान सुकमा जिल्लो पुलीस मुख्यालयांत पुलीस अधीक्षक किरण चव्हाण हांचे समोर आत्मसमर्पण केले.

SEBI – 55

भारतीय सिक्युरिटीज अँड एक्सचेंज बोर्ड (SEBI) न ल्हान गुंतवणूकदारांखातीर बेसिक सर्व्हिसेस डिमॅट अकाउंट्स (BSDA) खातीर पात्रताय निश्चित करपाखातीर झिरो कूपन झिरो प्रिन्सिपल (ZCZP) बॉण्ड वगळपाची शिफारस केल्या. तशेंच सेबीन डिलिस्ट केल्ल्या सिक्युरिटीजांक निलंबित सिक्युरिटीज सारकेच मानचे असो प्रस्ताव मांडला, कारण ह्या सिक्युरिटीजांत सक्रिय वेपाराचो उणाव आसा.ह्या उपायांक लागून अर्थीक समावेश सुदारतले अशें सेबीन एका मसुदो परिपत्रकात म्हणलां.

Badrinath – 35

उत्तराखंडांतल्या चमोली जिल्ह्यांतल्या पवित्र बद्रीनाथ देवळाचीं दारां आयज दनपारां 2:56 वरांचेर शियांच्या दिसा खातीर बंद आसतलीं. ह्याच बरोबर अंदूंची चार धाम यात्रा औपचारीकपणान सोंपता. हे पळोवपाक व्हड प्रमाणांत भक्त बद्रीनाथांत पावतात अशी म्हायती आमच्या प्रतिनिधींन दिल्या.

SIR – 70

खासा सघन पुनरावृत्ती (SIR) चो दुसरो ट्प्पो सुरु जाले उपरांत मतदारांमदि 99 टक्क्यां वयर गणना फॉर्म वांटल्यात अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. आतां मेरेन 50 कोटी 50 लाखां परस चड गणना फॉर्म वांटल्या अशें आयोगान सांगलें. एसआयआरचो दुसरो टप्पो 4 नोव्हेंबराक णव राज्यां आनी तीन केंद्रशासित प्रदेशांनी सुरू जालो.छत्तीसगढ, गोंय, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, राजस्थान, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, पुडुचेरी, लक्षद्वीप, अंडमान आनी निकोबार जुंवे हीं राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेश आसात.

IFFI – 100

सहित स्टुडीयो न निर्मित घर ह्या कोंकनि लघुपटाचे स्क्रिनिंग काल इफ्फीत गोय विभागावरवी जाले. ह्या पयली सहित स्टुडियो वतीन पाच सिनेमा इफ्फीत दाखयल्यात. ह्या सिनेमात मुखेल भुमिकेत रावी किशोर, तशेचं रोहित खांडेकार हांणी भुमिका साकारल्यात, जाल्यार किशोर अर्जुन हांणीहाणें ह्या लघुपटाचे दिग्दर्शन केला. Byte- kishor

JK – 65

जम्मू आणि काश्मीर या केंद्रशासित प्रदेशात सात चुनखडीच्या खनिज ब्लॉकांचो पयलो लिलाव कोळसो आनी खण मंत्री जी.किशन रेड्डी, मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला आनी उपमुख्यमंत्री सुरिंदर चौधरी हांणी संयुक्तपणान सुरू केलो. हातूंतल्यान केंद्र-राज्याची घटमूट भागीदारी आनी ह्या उपक्रमाचें ह्या प्रदेशा खातीर धोरणात्मक म्हत्व दिसून येता. राजौरी, पुंच, आनी अनंतनाग जिल्ह्यांत सुमार 314 हेक्टर क्षेत्रफळाचे वट्ट सात चुनखडीचे खंड लिलावा खातीर वळखून घेतल्यात अशें आमच्या प्रतिनिधींन कळयलां.

Afghan textile – 90

भारत आणि अफगाणिस्तानच्या उच्चस्तरीय शिष्टमंडळांनी वस्त्रोद्योग क्षेत्रात सखोल सहकार्याचे मार्ग सोदपाखातीर चर्चा केली. अर्थीक संबंद महासंचालक शफीउल्ला आजम हांच्या फुडारपणा खाला अफगाणिस्तानांतल्यान आयिल्ल्या उंचेल्या पांवड्यावेल्या शिश्टमंडळान नवी दिल्लींत कापड मंत्रालयाचे वेपार सल्लागार ए. बिपिन मेनन हांची भेट घेतली अशें वस्त्रोद्योग मंत्रालयान सांगले.

अफगाण शिश्टमंडळाचें फुडारपण अर्थीक संबंद महासंचालक शफीउल्ला आझम हांणी केलें.हे बसकेंत दोनूय वटांनी परस्पर सहकार्याच्या मार्गांचेर चर्चा केली, तातूंत अफगाण कापूस

शेतकारांक तंत्रीक आदार आनी प्रशिक्षण, शिपमेंट आनी व्हिसा सुलभताय, दोनूय देशांच्या उद्देगीक संस्थां मदीं लागींचो संपर्क हांचो आस्पाव जाता.

IMD – 70

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत वायव्य भारताच्या कांय वाठारांनी उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 डिग्री सेल्सियस देंवपाचो अदमास उक्तायला. अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांच्या कांय वाठारांनी केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हया वाठारांनी आज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच आज अस्तंत उत्तर प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हया वाठारांनी रातच्या वेळार आनी सकाळ फुडे दाट धुकें पडटलें असो अदमास हवामान खात्यान केला.

Kabaddi – 100

भारतान सेगीत दुसरे खेपे महिला कबड्डी विश्वचषक जिखलो. काल ढाकात जाल्ले फायनलींत तांणी चीनी ताइपेक 35-28 असो हरयलो. उपांत्य फेरयेंत भारतान इराणाचो 33-21 असो पराभव केलो. ताचे आदीं गट पांवड्यार तांणी चारय मॅची जिखिल्ल्यो. गट बी त पयल्या क्रमांकाचेर आशिल्लो चीनी ताइपे जैत मेळोवन फायनलींत पावलो. उपांत्य फेरयेंत ताणें यजमान बांगलादेशाचो 25-18 असो पराभव केलो. हे सर्तींत इकरा देशांनी वांटो घेतिल्लो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी बायलां कबड्डी विश्वचषकांत भारताच्या जैताची तोखणाय केल्या.

गृहमंत्री अमित शाह हाणी भारतीय बायलां पंगडाक कबड्डी विश्वचषक जिखल्ले खातीर परबीं दिल्यांत. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गृहमंत्र्यानि हे जैत अफाट अभिमानाचें खीण आशिल्ल्याचे सांगून बायलांच्या कबड्डी पंगडान इतिहास घडयला अशें सांगलां.